# युपीएससी प्रशिक्षण केंद्रां सुरू करपाची मुख्यमंत्र्यांची घोशणा

ता. 13 नोव्हेंबर 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी कैंद्रीय लोकसेवा आयोगाच्या परिक्षां अभ्यासक्रमांचे प्रशिक्षण दिवपा खातीर गोंय राज्यांतल्या सगळ्यां महाविद्यालयांनी प्रशिक्षण केंद्रां सुरू करपाचो विचार आशिल्ल्याची घोशणा करून फुडल्या शालेय वर्सा सावन ती सुरू करपाच्या उद्देशान उच्च शिक्षण संचालनालया वतीन येवजणेचेर काम चालू आशिल्ल्याचे सांगले.

मुख्यमंत्री आयज गोवन वार्ता लायव्ह मराठी चॅनलाचें लोकार्पण केले उपरांत उलयताले. लोकार्पण सुवाळ्याक उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर, महाराष्ट्र सरकारचे जनसंपर्क म्हासंचालक डॉ. दिलीप पांढरपट्टे, फोमेंतो उद्देग समुहाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. अंबर तिंबलो, गोवन वार्ताचे संपादक श्री. संजय ढवळीकर आनी गोवन वार्ता लायव्हचें संपादक श्री. किशोर नाईक गांवकर हाजीर आशिल्ले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान राज्य सरकार गोंय मुक्ती दिसाच्या 60 व्या वर्सुकीं दिसा निमतान राज्यांत तशेंच देशाच्या हेर वाठारांत वर्सभर वेगवेगळे कार्यक्रम आयोजीत करपात येतले म्हणपाचे सांगले. ह्या कार्यक्रमांतल्यान देशाच्या हेर वाठारांत राज्याच्या कला आनी संस्कृतीचे दर्शन घडोवपात येतले.

तिंबलो उद्देग समुहाच्या प्रयत्नांची तोखणाय करू डॉ. सावंत हांणी ह्या नाविन्यपुर्ण माध्यमातल्यान गोंयान आपली सोबितकाय जगामुखार प्रदर्शीत करपा बाबतीत आनीक एक पावल फुडें मारला म्हणपाचे सांगले.

उपमुख्यमंत्री श्री. चंद्रकांत कवळेकर हांणी ह्या कार्यक्रमातल्यान शेजारच्या महाराष्ट्र आनी गोंय राज्यामदले संबंद आनीक वाडटले अशें सांगले. तशेंच तांणी आयच्या दिसपट्ट्या घडामोडींची म्हायती कळपा खातीर अशां माध्यमांची गरज आशिल्ल्याचे म्हणले.

डॉ. दिलीप पांढरपट्टे, श्री. अंबर तिंबलो, श्री. संजय ढवळीकर हांचीय ह्या वेळार भाशणां जाली.

सुरवातीक श्री. किशोर नाईक गांवकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2020/684